१४-०३-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

जी कीशन रेड्डी - १३०

फुडल्या 6 म्हयन्याभितर गोंयचो खण वेवसाय पुराय क्षमतेन सुरु जातलो अशें केंद्रिय खण मंत्री जी कीशन रेड्डी हांणी म्हळा. सर्वोच्च न्यायालयान दिल्या निर्देशाप्रमाण राज्यातलो खण वेवसाय सरकार सुरु करतले अशेंय तांणी सांगले.

जाल्यार गोयांत अत्यंत महत्वाचो खनिज साठो आशिल्लो दोन खनिजांचे ब्लोकांचेर फुडल्या काय दिसांनी उत्खनन सुरु जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

गोंयच्या 12 खनिज ब्लोकांचो सध्या लिलाव जाला, हातुंतले णव खनिज ब्लोक बेगीनुच कार्यरत जावपाचे आसात अशी म्हायतीय मुखेलमंत्र्यानी दिल्या. केंद्रिय खण आनी पर्यावरण मंत्रालयाकडल्यान काय परवाने मेळुंक नाशिल्यान उरील्ल्या तीन ब्लोकांचे काम सुरु जावपाक कळाव लागतलो मात 2025 हे वर्सात गोंयचो खण वेवसाय पुराय क्षमतायेन सुरु जातलो अशेंय मुखेलमंत्र्यानी सांगला.

केंद्रिय खण मंत्री जी. कीशन रेड्डी हांणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत तशेच गोंय खण खात्याच्या अधिकाऱ्यावांगडा, गोंयच्या खण वेवसायांचो काल नियाळ घेतलो.

एमआयटीटी मॉस्को २०२५ त गोंय पर्यटन वांटेकार - ९०

मॉस्कोच्या क्रोकस एक्स्पोंत १८ ते २० मार्च २०२५ ह्या दिसा मजगती जावपी आनी रशियेच्या मुखेल प्रवासी वेपार प्रदर्शनां मदले एक आशिल्लें मॉस्को इंटरनॅशनल ट्रॅव्हल अँड टुरिझम एक्झिबिशन २०२५त गोंय पर्यटन वांटेकार जातले, अशी माहिती पर्यटन मंत्री रोहन खवटे हाणी दिली.

एक लोकप्रीय थळ म्हणून, गोंय राज्य आपल्या दोलायमान संस्कृतीन आनी विवीध अणभवां सयत अभ्यासकांक आकर्शीत करता. एमआयटीटी २०२५त आपले हजेरेंतल्यान, रशियन प्रवासी उद्देगा कडेन संबंध घटमूट करप, शाश्वत आनी पुनरुत्पादक पर्यटन चालीक लावप आनी राज्याचें समृद्ध दायज, योग आनी वेलनेस पर्यटन, साहसी पर्यटन आनी जेवणाचें प्रदर्शन करप, हो गोंय पर्यटनाचो हेत आसा.

गोंयचे पर्यटन मंत्री, रोहन खंवटे हांणी, एमआयटीटी मॉस्को हें प्रदर्शन आमचे खातीर रशियन प्रेक्षकां वांगडा बरे संबंद वाडोवपाची आनी दर्यादेगांच्या पलतडचें

एक गंतव्यस्थान म्हणून गोंयचें आकर्शण वाडोवपाची एक बरी संद दिता अशें म्हळा.

होळी - ६०

रंगांचो पारंपारिक सण होळी आयज पूराय देशभरात व्हडा उमेदीन मनयतात. हो सण वसंत ऋतूच्या आगमनाचे आनी वाईटाचेर ब-याच्या जैताचे प्रतीक आसा. ते एकता आनी सद्भावना वाडायता. ह्या उत्सवाची सुरुवात काल होलिका दहनान जाली. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी देशवासियांक होळीची परबी भेटयल्या. हो सण खोस आनी एक उमेद घेवन येता, अशें राष्ट्रपतींनी आपल्या संदेशात म्हळा. उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड आनी प्रधानमंत्री नरेंद्रमोदी हांणीय देशवासियांक होळीची परबी भेटयल्या. इतले मजगती, गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणीय होळीच्या रंगराळ्या उत्सवानिमतान गोंयच्या लोकांक काळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या. होळी हो रंगांचो उत्सव, उमेदीचो आनी खुशालकायेचो उत्सव आसा. हो उत्सव मनयतना दर एक मनीस इश्टागत आनी भावपणाचो संदेश पातळायता. होळी सणाच्या उमेदीच्या प्रसंगार प्रत्येकान आपलेपणाचे नातें, परस्पर समजीकाय, समाजीक अखंडताय आनी राष्ट्रीय एकात्मता वाडोवची असो उलो राज्यपालांनी मारला. हो उत्सव गोंयच्या लोकांक शांतिकाय, भरभराट आनी उमेद घेवन येव, अशें राज्यपालांनी आपल्या संदेशात म्हळा.